भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# जेजूचो एक भयानक काळ



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Byron Unger; Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- M. Maillot; Sarah S.

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.

जेजून उदकाचो
स्नान घेतलो तेन्ना
देव उलयलो. ताणें
म्हणलें, “हो म्हजो
मोगाळ पूत. ताचेर
हांव भरपूर खोशी
आसां.” देवाचो
पवित्र आत्मो
जेजूचेर पारव्या
भशेन देंवलो.





रोखडेंच देवाच्या पवित्र आत्म्यान जेजूक रानांतल्या जाग्यार व्हेलो. जेजू एकटोच आशिल्लो.

जेजून चाळीस दीस उपास केलो.
म्हणल्यार ताणें कसलेंच अन्न खाल्लें
ना. ताका खूब भुक लागली.



रानवटी जनावरांय आशिल्लीं अशें पवित्र पुस्तक सांगतां.



सैतान जेजूची परिक्षा करपाक आयलो. बऱ्याच आदीं ताणें आदांव आनी येवेक एदेन बागेंत देवाची आदन्या मोडची परिक्षा दिली. आतां जेजूची परिक्षा जातली.




सैतान देवाच्या
पुताक जेजूक लेगीत
परिक्षा करपाचो यत्न
करूंक शकतालो.


“तु देवाचो पूत आसल्यार” सैतानान
म्हणलें, “ह्या फातरांक भाकरी कर.”
जेजू उपाशी आसा हें ताका खबर
आशिल्लें. देवाचो पूत फातरांक भाकरी
करुंक शकता हें ताका खबर आशिल्लें.
जेजू सैतानाचें आदन्या पाळटलो काय?

जेजून सैतानाची आदन्या पाळ्ळी ना. ताचे बदला ताणें देवाच्या उतरांतल्यान जाप दिली. “मनीस फकत भाकरी खातीर न्हय, पूण देवाच्या तोंडातल्यान भायर सरपी दर एका उतरान जियेतलो.”



मागीर सैतानान जेजूक जेरुसलेमाच्या व्हडल्या शारांत, पवित्र देवळांत व्हेलो, थंय लोक देवाक भजताले. फुडें सैतान कितें करतलो?




“तुमी देवाचें पूत आसल्यार, स्वताक सकयल उडय” सैतानान म्हणलें. “ताचें उतर म्हणटा ताचे देवदूत तुका वाचयतले.”

“ना!” जेजून जाप दिली. “बरयल्लें आसा...’तुमच्या देवा सर्वेस्पराची परिक्षा घेवची न्हय.”





सैतानान परत प्रयत्न केलो. ताणें जेजूक शारा भायर
एका सामक्या उंच दोंगराच्या तेमकाचेर व्हेलो.

जेजूक दर एका पृथ्वीवयल्या राज्याचो सगळो वैभव दाखोवन सैतानान म्हणलें, “तुमी सकयल पडून म्हजी पुजा केल्यार हांव तुका सगळें दितलों.”



“पयस वच सैतान!” जेजून आदन्या केली. “बरयलां... तुमच्या देवा सर्वेस्पराची उपासना करात आनी फकत ताचीच सेवा करात.’”



सैतान जेजूक थोडो वेळ सोडून गेलो. मागीर कितें तरी अद्भुत घडलें. देवान आपल्या पुत जेजूक जाणे सैतानाचें आज्ञापालन करूंक नाशिल्ले, सांत्वन आनी काळजी घेवंक देवदूत धाडले.



# जेजूचो एक भयानक काळ

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

मातेव ४, लुकास ४

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! ज़ुांव 3:16